**गोंय पॅव्हिलियनाक उत्कृश्ट सजावट आनी प्रदर्शना खातीर पदक**

28 नोव्हेंबर 2023

नवी दिल्लीतल्या प्रगती मैदानाचेर जाल्ल्या 42 व्या भारतीय आंतरराष्ट्रीय वेपार मेळाव्यातल्या गोंयच्या पॅव्हेलियनाक उत्कृश्ट सजावट आनी थीमॅटिक प्रेझेंटेशना खातीर उत्कृश्ट पॅव्हेलियनाचो पुरस्कार फावो जालो. आयटीपीओचे अध्यक्ष आनी वेवस्थापकीय संचालक श्री प्रदीप सिंग खरोला हांच्या हस्तुकीं पुरस्कार भेटयलो.

प्रगती मैदानाचेर 100 चौ. मी. सुवातेत गोंय पॅव्हेलियनाची उभारणी करून आकर्शक अशी सजावट आनी मांडणी केल्ली. 14 नोव्हेंबर 2023 दिसा म्हायती प्रसिध्दी खात्याचे संचालक श्री दीपक बांदेकर हांच्या हस्तुकीं गोंय पॅव्हेलियनाचे उक्तावण जाल्ले.

14 दिसांच्या वेपार मेळाव्यात गोंय पॅव्हेलियनाक बरो प्रतिसाद मेळ्ळो. पॅव्हेलियनाक भेट दिवप्यांक उद्देगीक गुंतवणूकी खातीर आकर्शीत करपा वांगडाच राज्यातल्या पायाभूत सुविधांचो विकास, पर्यटन, उद्येग, येवजणो आनी धोरणांची म्हायती करून दिली, जाचो फायदो गोंयच्या उद्देग आनी पर्यटन क्षेत्राक जातलो.

गोंयच्या कलाकारांनीय गोंयच्या समृद्ध सांस्कृतिक परंपरांचे आनी वारशाचे सादरीकरण करून लोकांचे मनोरंजन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/913

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan, Panaji – Goa.